## MODEL ANSWER KEY

**SUBJECT: KONKANI. CODE : 1001 GRADE: 9 MAX.MKS.80**

1. B - तो केन्ना हाताभायर वता तेंच कळना.
2. C - सरकी पेंड खावन खावन पकदस्त जाल्लो.
3. D - वेगवेगळ्या चळवळींनी वांटो घेतलो.
4. A – शिवानंद सरान चिन्नास्वामीचे आवयक म्हणलें.
5. C – अनिकेतान अल्ताफाक म्हणलें.
6. A – फिलोमेनान भुरग्यांक म्हणलें.
7. C - गोमंत भारती संस्था सुरू केली.
8. D – दोळ्यांचेर दुर्बीण लावन वाठाराचेर नदर दवरून आशिल्ले.
9. D – एका माडाक तीन नाल्ल मेळटले हाचो मनांत हिशोब करीत जुजे खुशाल जाता.

10.A – वर्सभर खूबशें साध्य करपाचें तशेंच उरता.

11. B – फास्कॅत

12. C – शेणले

13. A – जैत

14. D – म्हारगाय

15. C – हांव पर्यावरणाची राखण करतलें.

16. B- मानांय

17. B- गरम

18. C – तेंगशी

19.D - आमची वागणूक अहिंसक आसूंक जाय.

20. A – स्वाभिमानी

21. शिंयांक लागून दांतखिळी वाजताली.

22. दोन तीन किलोमिटर बर्फांतल्यान चल्ल्या मात अकस्मात पावसाक सुरुवात जाली.

23. दर एकलो एकामेकाच्या फाटोफाट जमनीर नदर लावन चलतालो.

24. पावस आनी ताच्या सांगाताक पडपी करे सोसूंक जायनाशिल्ले.

खंयचेय चार वट्ट 4 गूण

25. जागरा मांडार शेकोटी खास करून घुमट आनी म्हादाळें गरम करपाक घालतात.

26. शिवानंद सराक चिन्नाच्या धाडसाचो आनी दुसऱ्या खातीर आपल्या जिवाचीपर्वा करिनासतना धांवून वचपाच्या गुणांचो अभिमान दिसता.

27. जय गोमंतक नांवाच्या कलापथकाक लागून घरा घरांत बल्कांवार, वाड्यावाड्यार कला पथकांतलीं गितां आनी घोशणा लोकांच्या तोंडांतल्यान घोळपाक लागलीं.

28. आयज कालच्या शिकपी तरणाट्यांक येरादारीचे नेम पाळून गाडी चलोवप म्हळ्यार लज दिसता.

29. नक्षत्रविद्येचो अभ्यास करून रवीन्द्रबाबान ब्रम्हांडांतलें तांडव हें पुस्तक बरयलें.

खंयचेय दोन वट्ट 8 गूण

30. हॅल्मेटाचे बाबतींत जायत्या जाणांक दिसता,वाटेर पुलीस आसता तेन्नाच जी वस्त तकलेर घालतात ताका हॅल्मेट अशें म्हणटात. बरेच फावट बायक चलयतल्याच्या फाटल्यान बसपी मनीस हॅल्मेट आपल्या हातांत घेवन बसता आनी पुलीस दिसतकच झूप करून चलयतल्याच्या माथ्यार चडयतात.जे हॅल्मेट घालिनासतना गाडी चलयतात तांची आजिबात चूक नासता.जांकां तकली आसता तेच हॅल्मेट तकलेक घालतात. जांकां तकली नासता ते हाताक घालतात, डिकिंत घालतात, फाटल्यान बशिल्याकडेन दितात अशें बरोवपी राजय पवार म्हणटा.

31. रवीन्द्रबाबांक जायत्यो भासो येताल्यो. मराठी, हिंदी आनी कोंकणींत तांणीं साबार पुस्तकां बरयलीं. हिमालयांत ह्या तांच्या प्रवास वर्णनाक १९७६ १९७६ वर्साचो साहित्य अकादमी पुरस्कार फावो जालो. तांची भाशाशैली सामकी सादी, सोपी, सरळ,रसाळ आनी म्हौंवाळ. सामकी सुटसुटीत. कठीण विशय लेगीत सोंपे उतरांनी कसो मांडचो ही देख ह्या म्हान लेखकाकडल्यान कोणेय शिकची.

32. गोंयच्या भूंयपुतांमदीं दोन विचारसरण्यो जाल्ल्यो. गोंयची संस्कृताय मराठी तीच आमची मायभास अशें म्हणटल्यांक दिसतालें की गोंयांक महाराष्ट्रांत विलीन करचें.तर कोंकणीच गोंयची मायभास. गोंयची प्रादेशीक संस्कृताय वेगळी, गोंयची अस्मिताय वेगळी. गोंयचे वेगळें अस्तित्व गोंयकारांनी सांबाळूंकच जाय असोय विचार मुखार आयलो.दोनूय पंगडां मदीं संघर्श सुरु जालो. म्हूण भारत सरकाराक गोंयचे खातीर जनमत कौल घेवचो पडलो.

33. शिवानंद सर हो चिन्नास्वामी खातीर देव आसलो. घाटावेल्यान येवन कोणाल्याय भाटांत शेतांत कुटूक मुटूक करून जीण सारतल्या चिन्ना स्मामीच्या आवय बापायक,. शिवानंद सरानूच आपल्या भाटांत इल्लीशी खोंप काडून आलाशिरो दिल्लो. तांतूतच गंजलो खिळो तोपिल्ल्याचें निमित्त जावन चिन्नाचो बापूय धनकुटेर पडून भायर पडिल्लो. हे अवतिकायेंत तांकां पोटाचो आदार म्हूण सरान आपल्या शेताचो कांय वांटो भागाक खंडणेक दिल्लो. तो कुडको कसोवन आवय पूत खातालीं. हो व्हडलो उपकार केल्लो.

खंयचेय दोन वट्ट 2 गूण

34. एकामेकांकडेन फकांडां करूंक आपले पिळगेकडेन इश्टागत करची.

35. गांवांत जळींमळीं मांडांच्यो ओळी धोलताल्यो.

36. म्हारगाय वाडता तेन्ना कवी फक्त बडबड करता आनी पद्धत बदलूंक जाय म्हणत रावलो.

खंयचेय तीन वट्ट 6 गूण

37. कवी कबड्डी, खो खो, लगोरी, गुयंडे बार आनी गडड्यांनी खेळटालो.घरांत ताबलांनी, कांगांनी, लिपचेल्यांनी खेळूंक गुल्ल जातालो. कवीच्या भुरगेपणांत जळींमळीं माडांच्यो ओळी धोलताल्यो, गांवांत तळीं आसताली. शाळेंतली भुरगीं काजू , चिंचो , बोरां,तोरां पुंजायत भोवतालीं पूण आयज ह्यो सगळ्यो फक्त यादी कशो उरल्यात.

38. भुरग्यांनी आपल्या आज्याकडेन ताच्या थरथरपी हातांक इश्टागतीची साथ साथ आनी माया दाखोवंक जाय. भुरग्यांक आज्याच्या अणभवाचो फायदो

जातलो. हाका लागून आज्याकडेन इश्टागत करची.

39. नया वर्ष हे कवितेत विचारांची खोलाय आसा. नव्या वर्सा नवे विचार नवी संकल्पना आशा चिंता हुस्को म्हारगाय हे विचार मांडटा.

40. जुजे हो एक पाडेली जो आपल्या जिवाची पर्वा करिनासतना माकडा वरी सहज नाल्ल पाडटा. एका माडावेल्यान दुसऱ्या माडार वचप ताका सहज शक्त जाता. मनीस आसूनय माकडावरी काम करता.

फावो तो वाक्प्रचार बरोवन वाक्य पुराय करात वट्ट 2 गूण

41. मनशान स्वताच्या स्वार्था खातीर पर्यावरण <u>दाना दिस्पट केलां.</u>

42. भारताक संवसारांतलें आदर्श राष्ट्र करपाक सगळे भारतीय <u>हातभार लायतात</u>

खंयचेय चार वट्ट 4 गूण

43. खेळ सोंपतकच सगळे भुरगे घरा वतले.

44. आमच्या जागरांत पुर्वजांचें दायज आनी गोंयचे मातयेचो गंध आसा

45. ताणे सरळ बांयत उडी मारून भुरग्याक वांचयलो

46. भारत स्वतंत्र जातकच देशाचो कारभार लोकशाय पद्धतीन चलूंक लागलो.

47. तो केन्नाच घडयाळ दाव्या हाताक घालना.

खंयचेय दोन वट्ट 2 गूण

अव्ययांचो योग्य तरेन वापर करून अचूक वाक्य बरयल्यार दर एका वाक्याक एक एक गूण दिवचो.

48. अव्यय

49. अव्यय

50. अव्यय

जाप अचूक आसल्यार पुराय गूण दिवचे वट्ट 5 गूण दर एके जापेक 1 गूण.

51. रानां कापप, प्रदुशण करप, सैमीक संपत्तीचो चड वापर अशा मनशाच्या वावराक लागून पर्यावरणाचें मोठें लुकसाण जालां.हें लुकसाण चालूच उरलें जाल्यार फुडले पिळगेक भलायकेन भरिल्लें जिवीत जगप कठीण जातलें.

52. उदकाच्या प्रदुशणाक लागून उदकांतल्या जिवांक हानी जाता आनी उदक पिवपाक असुरक्षित जाता.

53. उद्देग धंदे आनी शार उदरगती खातीर झाडां कापल्यार रानांचो आंवाठ उणो जाल्ल्यान हवामानांत बदल जावन रानटी जनावरांचें लुकसाण जालां.

54. नागरीकांनी एकठांय येवन पर्यावरणाची राखण केली जाल्यार धर्तरी सुरक्षीत उरतली

55. प्लास्टीक कोयर सोपेपणी कुसना आनी तो जमीन आनी उदक प्रदुशीत करता हो ज्वलंत प्रस्न मांडला.

कोंकणी भाशेंत अचूक अणकार आसल्यार पुराय गूण दिवचे नाजाल्यार कमी दिवचे वट्ट 2 गूण.

56.येस केन्नाच रातयांत येना. दर एका ध्येया फाटल्यान अगणित वरां सराव, संघर्श आनी निर्धार आसता.

57. आपोवणें अचूक बरयलां जाल्यार पुराय गूण दिवचे नाजाल्यार कमी गूण दिवचे वट्ट 5 गूण.

58. नोकरे खातीर अर्ज. वट्ट 5 गूण

अर्ज करतल्याचो नामो ½

तारीख ½

कोणाक धाडटा ताचो नामो ½

विशय ½

मुखेल विशय विस्तार, भाशाशुद्धी 2 ½

बरयतल्याची सय ½

59. औपचारिक चीट वट्ट 5 गूण

बरयतल्याचो नामो आनी तारीख 1

कोणाक बरयता तो नामो ½

विशय 1

मुखेल विशय, भाशाशुद्धी 2

बरयतल्याची सय ½

60. योग्य भाशाशैली, भाशाशुद्धी, विरामचिन्हांचो वापर करून अचूक संवाद बरयल्यार पुराय गूण दिवचे नाजाल्यार कमी गूण दिवचे वट्ट 4 गूण.

निबंद लेखन वट्ट 7 गूण स्वंयचोच एक

61. निबंदाची सुरवात - 2

62. विशय मांडावळ - 3

63. (भाशाशैली, विरामचीन्हां, म्हणी, ओपारी, वाक्प्रचारांचो आस्पाव)

64. भाशाशुद्धी -1

निश्कर्श - 1